नमस्कार आकाशवाणी पणजी केंद्राच्या

प्रादेशिक खबरा

राष्ट्रीय खबरो दिता.

Date : 13/03/2025 6.30 PM

60

विदेश मंत्री सुब्रह्मण्यम जयशंकर आनी म्हायती आनी प्रसारण मंत्री अश्विनी वैष्णव हांणी संवसारीक ऑडियो व्हिज्युअल आनी मनरिजवण शिखर परिशद - वेव्स 2025 पयलीं आयज नवी दिल्लींत जाल्ल्या कार्यावळीक वांटो घेतलो. जसो संवसार नेटान बदलत आसा तसो दृश्य, श्रव्य आनी मनरिजवणेचें रूपय बदलत आसा अशे वैष्णव हांणी सांगलें.प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी हांणी कंटेंट क्रिएटरां खातीर माची उपलब्ध करून दिला अशें तांणी सांगलें.

60

केंद्रीय घरमंत्री अमित शाहा हाणी आयज गुजरातांतल्या गांधीनगरांत 146 कोटी रुपयां मोलाच्या जायत्या उदरगत प्रकल्पांचें उक्तावण केले आनी काय प्रकल्पांचो बुन्यादी फातर घालो. हे प्रकल्प रेल्वे, रस्तो आनी भलायकी सेवाकडेन संबंदीत आसात. राज्यान येरादारी आनी उर्जा क्षेत्रांत म्हत्वाची प्रगती केल्या अशे गुजरातांतल्या परिवर्तनकारी उदरगतीचो उल्लेख करतना ताणी सांगलें. तशेंच साणदांत 500 खाटींचें हॉस्पिटल आनी गांधीनगरांत नवे सिव्हिल हॉस्पिटल स्थापन करपाची घोशणा ताणी केली.

75

2047 मेरेन भारताक विकसीत राष्ट्र करपाच्या दृश्टीकोना प्रमाण रणनितीक धोरणां आनी उपक्रमां वरवीं तरणाट्यांक सशक्त करपाक केंद्र सरकार बांदिल आसा अशें केंद्रीय युवा वेव्हार आनी खेळां मंत्री डॉ मनसुख मांडवीय हाणी सांगला . भारताचो फुडार घडोवपाक तरणाट्यांची भुमिका म्हत्वाची आसा हाचेर ताणी भर दिलो. तरणाट्या विद्यार्थ्यांचें बळगें, महत्वाकांक्षा आनी नवकल्पना भारताक उदरगतीच्या दिकेन वचपाच्या प्रवासाक चालना दितली अशें तांणी सांगलें. देशातल्या तरणाट्यांच्या निर्धार आनी प्रतिभेंतल्यान विकसीत भारताचें सपन साकार जातलें अशें डॉ मंडाविया हांणी सांगलें

45

भारतीय अंतराळ संशोधन संघटणेन अंतरिक्ष डॉकिंग प्रयोग (SpaDEx) मोहिमेतल्या दोन उपग्रहांचें अनडॉकिग करपाचें काम येसस्वीपणान पुराय करून भारताच्या अंतराळ संशोधन प्रवासांत मैलाचो

फातर थारला. इसरोन स्पॅडेक्स मोहिमेचो  एक भाग म्हूण अनडॉकिंग प्रयोगाचें यशस्वी प्रदर्शन केल्ल्या खातीर केंद्रीय विज्ञान आनी तंत्रज्ञान मंत्री डॉ जितेंद्र सिंग हाणी  परबीं दिल्यांत.

105/135

फुडल्या 6 म्हयन्याभितर गोंयचो खण वेवसाय पुराय ताकीन सुरु जातलो अशे केंद्रिय खण मंत्री जी कीशन रेड्डी हांणी म्हळा . सर्वोच्च न्यायालयान दिल्या निर्देशाप्रमाण  राज्यातलो खण वेवसाय सरकार सुरु करतले अशे तांणी सांगले.  जाल्यार गोयांत अत्यंत  महत्वाचो खनिज साठो आशिल्लो दोन खनिज  ब्लोकांचेर  फुडल्या काय दिसांनी उत्खनन सुरु जातले अशी म्हायती गोंयचे मुखेलमंत्री दोतोर प्रमोद सावंत हांणी दिल्या. गोंयच्या 12 खनिज  ब्लोकांचो सध्या लिलाव जाला,  हातुल्ले णव खनिज  ब्लोक  बेगीनुच कार्यरत जावपाचे आसात  अशी म्हायती मुखेलमंत्र्यान दिल्या. केंद्रिय खण आनी पर्यावरण मंत्रालयाकडल्यान काय परवाने मेळुक  नाशिल्यान उरील्लया तीन ब्लोकांचे काम सुरु जावपाक  कळाव लागतलो मात  2025  वर्सात  गोंयचो खण वेवसाय पुराय ताकीन सुरु जातलो अशे मुखेलमंत्र्यानी म्हणला.

100

देशांतल्या वेगवेगळ्या वाठारांनी होळीची परब व्हड उरबे उमेदीन मनयतात . उत्तर प्रदेशांत वृंदावन आनी वाराणसींत होळी उत्सव मनोवपाक सुरु जाला. आयज गोरखपूरांत जावपी होलिका दहन कार्यावळीक  मुखेलमंत्री योगी आदित्यनाथ हाजीर रावपाचे आसात. राजस्थानांतय अजमेर लागसारच्या पुष्करांत होळीचो उत्सव सुरू जाला, तशेंच व्हड प्रमाणांत विदेशी पर्यटक होळीचो उत्सव पळोवपाक आयल्यात.  अस्तंत बंगालांतय होळी उत्सव सुरू जाल्या.  आयज महाराष्ट्रांतूय  होलिका दहन जातले.  कोंकण आनी गोयात शिगमोत्सव सुरू जाला आनी फाल्यां राज्यांत धुलवाड उत्सव मनयतले.

60

भारतीय हवामान खात्यान आयज विदर्भा, ओडिशा आनी गुजरातांत उश्णतायेच्या ल्हारांचो अदमास उक्तायला. तशेच आसाम, मेघालय आनी अरुणाचल प्रदेशांतल्या कांय वाठारांनी चड पावस पडपाचो अदमास उक्तायला .  दिल्ली, हरियाणा, जम्मू-काश्मीर, चंडीगढ, उपहिमालयन अस्तंत बंगाल, आनी सिक्किमात आयज वादळी वाऱ्यासयत गडगड जावपाची शक्यताय आसा अशे आयएमडीन सांगलें.

बायलांच्या प्रिमियर लीग क्रिकेट सर्तींत  आयज सांजे साडेसात वरांचेर मुंबयच्या ब्रबोर्न मैदानार मुंबय इंडियन्स आनी गुजरात जायंटस पंगडामदीं खेळ जातलो.

इतल्यान ह्या राष्ट्रीय खबरो सोपल्या.  आकाशवाणी पणजीचे मुखावेले राष्ट्रीय खबरापत्र तुमका आयकुक मेळटले फाल्या सकाळी आठ जावण चाळीस मिंनटाचेर